## भारतीय संविधान सप्तक कार्यक्रमाचेर बसकेत भासाभास

ता. 16 जानेवारी 2019
26 पौष 1940

काल मडगांवा माथानी साल्डाणा प्रशासकीय प्रकल्पात दक्षिण गोंय अतिरिक्त जिल्होधिकारी श्री. सुरेंद्र नाईक हांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्ल्या बसकेत ता. 19 ते 25 जानेवारी 2019 मेरेन ''भारतीय संविधान सप्तक'' मनोवपाखातीर कार्यक्रमाची तयारी करपाचेर भासाभास जाली.

बसकेत दक्षिण गोंयात मडगांवच्या जी.आर.कारे कायदो महाविद्यालयातल्या शिक्षकांच्या सहकार्यान तालुका पातळीचेर संविधान जागृती व्याख्यानां आयोजित करपाचो निर्णय घेतलो. अतिरिक्त जिल्होधिकारी श्री.नाईक हांणी अशा व्याख्यानांक शाळां आनी महाविद्यालयांचे विद्यार्थी, पंचायत वांगडी आनी नागरिकांची उपस्थिती आसतली हाची जबाबदारी सबंदीत अधिका-यांनी घेवची, अशें सांगलें.

हया कार्यक्रमातल्यान लोकांक भारतीय संविधानाची वैशिश्टयां, म्हत्व आनी फायदे हे विशीं पटोवन दितले. सप्तकातल्या उत्कृश्ट कार्यक्रमाक पुरस्कार भेटयतले, अशेंय श्री. नाईक हांणी बसकेत सांगलें.

मा/वाप/टीएससां/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/43